# 10


# हांव म्हजो दीस कसो सारतां ?






नमस्कार इश्टांनो. हांव पिहु. म्हजी पिराय 6 वर्सां जावन आसा. आयज हांव सकाळच्यान रात मेरेनचें म्हजें दिसपट्टें वेळापत्रक तुमकां सांगतां.


पळय! सुर्योदय जाता. सकाळ जाली.





हांव सकाळचें म्हज्या खाटीर सावन उठतां आनी पेलोभर उदक पितां.


म्हजो दीस योगा आनी व्यायाम करून सुरु जाता.





उपरांत, हांव दांत घांसतां आनी न्हावतां.

उपरांत, च्या घेतां आनी शाळेंत वचपाक तयार जातां.






© NCERT not to be republished


हांव शिकतां आनी म्हज्या इश्टां सयत शाळेंत खेळटां.






सूर्य मळबांत खूप तेंगशेर आसा. हो दनपारचो वेळ. हांव म्हजे हात धुतां आनी म्हज्या इश्टां सयत दनपारचें जेवतां.

हांव शाळेंतल्यान घरां येतां आनी कांय वेळ विसव घेतां.








पळय! सुर्यास्त जाता. हो सांजेचो वेळ. हांव म्हज्या इश्टां सयत खेळटां आनी उपरांत शिकपाक बसता.

थंय पळयात चंद्र आनी नक्षत्रां मळबांत दिसतात. हो रातचो वेळ





हांव रातचें जेवण म्हज्या घरच्यां सयत करतां.

हांव काणयांचें पुस्तक वाचून रातचो न्हिदपाक वतां.



© NCERT not to be republished



## उलोवया

1. तुमचें दिसपट्टें वेळापत्रक कशें आसा?
2. तुमी तुमचे दांत केन्ना घांसतात?
3. तुमी केन्ना न्हांतात?



## सुरवात करया

1. ज्यो गजाली तुमी सकाळीं करतात त्या गजालींक ✓ अशी खूण करात.

2. तुमी दिसपट्ट्यो ज्यो गजाली वा कामां करतात वा पळयातात तांचे मुखार ✓ अशी खूण करात.


   


3. ज्यो गजाली तुमी रातच्यो करतात तांचे मुखार ✓ अशी खूण करात.


   

© NCERT not to be republished

**चित्राक पळोवन दिसाचो खंयचो वेळ दाखयला ताचो अंदाज लायात. त्या वेळाक तुमी कितें करतात हें तुमच्या इश्टां बरोबर भासाभास करात.**











## आतां करुया


**जे गजालीक सगळ्यांत चड वेळ लागता ते गजालीक रंग करात.**

A.






B.





© NCERT not to be republished

# रुतूं



गीम



वसंत



पावसाळो



शियांळो

वयर दिल्लीं चित्रां पळयात आनी गीम, शिंयाळो, वसंत आनी पावसाळो ह्या रुतूं मदलो फरक वळखात.

## वस्तू रुतूं सयत जुळयात.

पावसाळो

वसंत




गीम

शिंयाळो

© NCERT not to be republished

## आतां उलोवया

1. तुमकां गिमाच्या दिसांनी कितें खावपाक आवडटा?
2. तुमकां शिंयाळ्यां दिसांनी कितें खावपाक आवडटा?

## आतां करया

**रुतुंचीं नावां बरोवन छायाचित्रां सयत जुळयात.**



© NCERT not to be republished

## प्रकल्पाचें काम

भुरग्यांक वेगवेगळ्यां रुतूंत खावपाक मेळपी तांच्या आवडट्या पदार्थांचें चित्र काडपाक लायात जे पदार्थ गांवांतल्या उत्सवांनी वेगवेगळ्यां रुतूं दरम्यान करतात.